आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

06.08.25 7.20 pm

- पाच PCR वाहनांचे उक्तावण केला. गुन्यावकारी घडणुकां वेळार लोकामेरेन कमीतकमी वेळात पावपा खातीर ही वाहना घेतल्यात अशे खबरा कारांकडे उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले

- गोंयांत आता नुस्ते म्हारग जाला अशा परीस्थितीत गोंयाकरांनी नुस्ते खांवचे तरी कशे असो प्रस्न आयज आमदार रुदाल्फ फर्नांडीस हांणी नुस्तेमार खात्याचे मंत्री निळकंठ ङळर्णकार हांका केल्लो

- गोंयच्या गावगिऱ्या वाठारांनी मेगा प्रकल्प , हॉटेला वाडपाक लागल्यात, ताका लागुन मुळ गोंयांकरा परस गोंयांभायले येवन हांगा आपलो वेवसाय करतात. अशे आमदार कर्लोस फरेरा हांणी म्हणला.

- हर घर तिरंगा २०२५ मोहिमेचो भाग म्हणून भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण गोय मंडळान आयज तिरंगा रॅलीचे आयोजन केल्ले.

Cm 20

पाच P CR वाहनांचे उक्तावण केला. गुन्यावकारी घडणुकां वेळार लोकामेरेन कमीतकमी वेळात पावपा खातीर ही वाहना घेतल्यात अशे खबरा कारांकडे उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले **byte**

फिश cm Rashmi 190

शीत- कडी जोवपी गोंयांत आता नुस्ते म्हारग जाला,नुस्त्याचे मोल मळबाक तेकिल्लयान ते गोंयकारांक आता परवडना,जेटीचेर नुस्त थेट विकत घेवपी एजंन्ट तयार जाल्यात, कांय एजंन्ट नुस्ते थेट निर्यात करतात, हाका लागुन नुस्त्याचो ऊणाव जाला. अशा परीस्थितीत गोंयाकरांनी नुस्ते खांवचे तरी कशे असो प्रस्न आयज आमदार रुदाल्फ फर्नांडीस हांणी नुस्तेमार खात्याचे मंत्री निळकंठ ङळर्णकार हांका केल्लो. गोंयातले नुस्ते भायर गेल्यान शेजारच्या राज्यातले नुस्ते गोंयात येता . हे नुस्ते झेलाचे, तशेचं तातुंन फोर्मेलिन आसुयेता, फोर्मेलिन आसा

काय ना ते पळोवपाक गोयंच्य फार्मासीनी लिटमस पेपर विकपाक दिवचे अशी मागणी फर्नांडीस हांणी केली.

सरकारान भौशिक खाजगी भागिदारीतल्यान कोल्ड स्टोरेज सुविदा चालीक लावची, तशेचं quality control of india चे testing lab सुरु करचे अशी सुचोवणी तणी केली.

ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी फुडल्या 6 म्हयन्याभितर कोल्ड स्टोरेजीचो प्रस्न सुटावो करता,तशेचं quality control of india चे testing lab चालीक लावपाच्या नदरेतल्यान काम सुरु करता अशे आस्वासन दिले.

इतलेमजगती विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी इसवण, तिसऱ्यो, मोडसो तशेचं हेर गोंयकार खातात ते नुस्ते निर्यात करचे न्ही, हेर नुस्ते जे गोंयकार खायनात तेच नुस्त निर्यात करचे अशी मागणी केली.तशेचं cage fishing चालीक लावची अशी सुचोवणी केली.

गोंयकारांक अनुदानीत मोलान नुस्ते मेळोवन दीवपाखातीर 6 म्हयन्याभितर धोरण चालीक लावपाचे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दीला.

Carrying capacity Rashmi 180

गोंय हे ल्हान राज्य, मात सध्याची परीस्थितीचो नियाळ घेत जाल्यार ल्हान राज्यात चड उदरगत करपाचे प्रमाण नदरेक पडटा. हाका लागुन लायट, उदक, कोयराचो विल्हो, सिवरेज यंत्रणा, तशेंच हेर मुळाव्या साधन सुविधेचेर चेपण येता, ताका लागुन ह्या सुविधांची ताक क्षमता कीतली , तांच्या क्षमतेचो अभ्यास करुन उपरांतुच उदरगतीच्या कामांक सरकारान मान्यताय दिवपाची गरज आसा. गोंयच्या गावगिऱ्या वाठारांनी मेगा प्रकल्प , हॉटेला वाडपाक लागल्यात, ताका लागुन मुळ गोंयांकरा परस गोंयांभायले येवन हांगा आपलो वेवसाय करतात. अशे आमदार कर्लोस फरेरा हांणी म्हणला. सरकारान मुळाव्या साधन सुविधेच्या ताकीच्या क्षमतेविंशी अभ्यास केला कांय असो प्रस्न तांणी

आयज प्रस्नोत्तराच्या वराक पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांका केल्लो. आमदार विजय सरदेसाय हांणी गावच्या बारीक रस्तयाचेंर लेगीत येरादारीचे प्रमाण वाडला, ते रुंद करपाची मागणी केली.

ह्यावेळार पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो

हांणी Ru- urban ही संकल्पना सध्य गावगिऱ्य वाटारात पळोवपाक मेळटा अशे तांणी म्हणले. उदरगत जाता ती थांबोवपाक शकना, मात भौशिक मुळाव्या सुविधांचेंर वाडट्या लोकसंख्या आनी बांदकामाखातीर जे चेपण येवपाक लागला, तो प्रस्न सुटावो करपाच्य नदरेतल्यान काम करता अशे आस्वासन सभाघराक दिले. तशेच ह्या मेगा प्रकल्पाकातीर सराकर जमिन विकीनात, ते गोंयकार विकतात , ताका लागुन गोंयांभायल्या लकांक जमनि विकप कायं ना ताचे विंशी **गोंयकारांनी** चितपाक जाय अशे म्हणला.

dogs Rashmi 120

गोंयांत मनशाकं कुत्रे चावपाच्या प्रमाणात वाढ जायत आसा. हे विंशी गोंय जनावरा साबांळ खाते किते उपाय येवजण करता काय असो प्रस्न आमदार डिलायला लोबो हाणी मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांका केल्लो.

गोंय हे पर्यटन राज्य, ताका लागुन कुत्रे जर पर्यटकांक चावले जाल्यार ताचो राज्याच्य पर्यटनाच्या प्रतिमेचेर वायट परीणाम जाव येता अशेय डीलायला लोबो हाणी म्हणला. हे विंशी प्रत्येक पंचायतीनी कुत्र्यांचे लसीकरण, निर्बिजीकरण करपी बिगर सरकारी संघटनाकडे कबलात करची अशी मागणी डीलायला हांणी ह्यावेळार केला.

हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करता अशे आस्वासन मंत्री निळकंठ हर्ळणकार हांणी दिले.

Worldwide vetinary servicesचे आसगांव आशिल्ले केंद्र सध्या तीन तालुक्यातल्या कुत्र्याच्या लसीकरणांक तशेच हेर उपयांचेर काम करता, तांचेर कामाचो ताण आसा, ताका कर्मचार्यांचो उणाव आसा अशे आमदार डिलायला लोबो हाणी सबाघराच्य नदरेक हाडुन दिले.

Hyo

Forest 40 rashmi

राना काबार केल्यान ,तशेच मोट्या प्रमाणात दोगोंर कापिल्लयान सध्या रानतली वखदी झाडा उणी जावपाक लागल्या. चवथींक माटोळेक लागपी कांगल्यो, करमला,कंवनाळ, तसेच हेर साहित्य मेळपाक कुस्तार जाला, सराकरान हे विंश लक्ष घालुन गोंयचो सैम सामाळपाच्य नदरेतल्यान काम करचे अशी मागणी आमदार विरेश बोरकार हांणी शुन्य वराक केल्या.

विजय 30 rashmi

आमदार विजय सरदेसाय हांण पारव्यांच्य वाडट्या प्रमाणाविंशी जावपी दुयेसाचेर शुन्य वराक सभाघरात म्हायती दिली. पारवे थंड सुवातीनी खासा करुन वातानुकुलित सुवातीनी येंवन रावताता, तांका लागुन ताचेंपासत Cryptococcus सारकी श्वासाची दुयेसा जांवक शकता अशे सबाघराच्या नदरेक हाडुन दिले.

45 rashmi

goa anribiotics pvt limited कंपनीन कर्मचाऱ्यांक फाटल्या अडेज म्हयन्यां सावन पगार दिवंक नाशिल्ल्यान आमदार जित आरोलकारान हुस्को उक्तायला. सरकारान प्राधान्यान हस्तक्षेप करून पगार वेळार दिवपाची खात्री करची, खास करून चतुर्थी उत्सव लागीं पाविल्ल्यान सरकारान हो प्रस्न बेगोबेग सुटावो करचो अशी मागणी जित आरोलकार हांणी केला

.

Rashmi 50

झुवारीनगर हांगा गोंय साधन सुविदेवरवी बांदिल्ले नुस्ते मार्केट कितलीश वर्सा जाली उपयोगा विणे पडुन आसा. ताचे उक्तावण जांवक ना . मात हांगा लायिल्ली जनेला, दारा, तशेचं स्टीलचे हेर वस्तु मात ना जाल्यार, नुस्तेकाराकं रसत्यार बसचे पडटा, सराकरान ह्या मार्केटाचे नुतनीकरण करुन ते उक्ते करचे अशी मागणी आमदार आन्तोंन वाझ हांमी केल्या.

लायब्ररी 30 rashmi

गांवगिऱ्या वाचनालयांतल्या कर्मचाऱ्यांक फावो ती सुविधा नाशिल्ल्यान आनी उण्या पगाराचेर आमदार निलेश काब्रालान हुस्को उक्तायलो. ताका जाप दितना मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी वाचनालय कर्मचाऱ्यांचो पगार वाड करपाच्या नदरेतल्यान पळयता अशे आस्वासन दीला.

हर घर 40 महेश

हर घर तिरंगा २०२५ मोहिमेचो भाग म्हणून भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण गोय मंडळान आयज तिरंगा रॅलीचे आयोजन केल्ले. अधीक्षक पुरातत्वशास्त्रज्ञ ए.के. तिवारी, सहाय्यक अधीक्षक पुरातत्व अभियंता एस.ए. कांबळे, हेर कर्मचारी सदस्य, ह्या H G T तिरंगा रॅली मोहीम २०२५ त सहभागी जाल्ले

गणेश 65

शेळपें- धुळेर हांगा रान खात्यान केल्ले कारवायेंत गारांचे कांती पसून तयार केल्लीं १४ घुमटां आनी ४७ गारीच्या कातीचो सांठो जप्त केलो. तशेंच एका थळाव्याक अटक केली. गारींचो आसपाव रानजीव संरक्षण कायदो १९७२ खाला संरक्षीत जनावरां मदीं आसा. ह्या जनावरांच्या कांतीचो वापर खंयचीय वस्तू वा जेवण करपाक खर गुन्यांव मानतात. गोंयांत अशे तरेच्यो रान जीव तस्करीच्यो घडणुको आडावपा खाती जनतेन सहकार्य करचें, असो उलो रान खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी मारलो.

कृष्णा 30 rashmi

एक हजारां वयर रहिवासी रावपी मान्यताय नाशिल्ली सहकारी संस्था नियमित करपा खातीर धोरण तयार करचें असो उलो आमदार कृष्ण साळकारान सरकाराक मारला. हे वीशी लक्ष घालता अशे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दीला

Weather 35

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडलया काय दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

Sports 60

गोयचे प्रतिभाशाली युवा जलतरणपटू पूर्वी नाईक हाणे बंगळूर हांगा जलल्या ४१व्या राष्ट्रीय सबज्युनियर जलतरण स्पर्धेत दोन भंगरा आणि एक रुपया पदक मेलोवन एकूण तीन पदकांसयत चलयांच्या गटा तीनात विजेतेपद पटकायले

पूर्वी हाणे स्पर्धेत सोमारा 200 मीटर फ्रीस्टाईलांत भंगरा पदक जिकिल्ले . ४०० मीटर फ्रीस्टाईलांत रुपया तर , १०० मीटर फ्रीस्टाईल सत्रात भंगरा पदक जिंकले. या कामगिरीक लागून ताणे चलयांच्या गट तीनात पयले स्थान पटकायले

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावत काय मुखेल खबरो

- पाच P CR वाहनांचे उक्तावण केला. गुन्यावकारी घडणुकां वेळार लोकामेरेन कमीतकमी वेळात पावपा खातीर ही वाहना घेतल्यात अशे खबरा कारांकडे उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले

- गोंयांत आता नुस्ते म्हारग जाला अशा परीस्थितीत गोंयाकरांनी नुस्ते खांवचे तरी कशे असो प्रस्न आयज आमदार रुदाल्फ फर्नांडीस हांणी नुस्तेमार खात्याचे मंत्री निळकंठ ङळर्णकार हांका केल्लो

- गोंयच्या  गावगिऱ्या वाठारांनी मेगा प्रकल्प  , हॉटेला वाडपाक लागल्यात, ताका लागुन  मुळ  गोंयांकरा  परस   गोंयांभायले  येवन  हांगा  आपलो वेवसाय  करतात.   अशे आमदार कर्लोस फरेरा हांणी म्हणला.

- हर घर तिरंगा २०२५ मोहिमेचो भाग म्हणून भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षण गोय मंडळान आयज  तिरंगा रॅलीचे आयोजन केल्ले.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले प्रादेशिक खबरांपत्र तुमका aykunk मेलटले फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिंटचेर नमस्कार